आकाशवाणी पणजेच्या

Panaji National

राष्ट्रीय  खबरो

Date : 11/03/2026 6.30 PM

थायलंडांतल्या फुकेत विमानतळार, हैदराबादातल्यान फुकेत वचपी एअर इंडिया एक्सप्रेस विमानांच्या नोज-व्हीलान समस्या निर्माण जाली. सूत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण विमान धांवपट्टीचेर अडकलें आनी हे घडणुके उपरांत अधिकार्यांनी फुकेत विमानतळार विमान सेवा स्थगीत केल्या. एअर इंडिया एक्सप्रेसान निवेदनांत सांगलां की, कृवान सगळयो प्रमाणीत प्रक्रिया पाळ्ळयात आनी लोकांग विमानातल्यान  सुरक्षितपणान सकल देवयल्यांत.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केरळाचें नांव बदलून 'केरलम' करपाच्या ह्या निर्णयाची एनडीएच्या  बसकेंत तोखणाय केली केरळमाच्या कोची शारांत 'विकसीत केरळम विथ मोदी'ह्या नांवान जाल्ले एनडीएचे बसकेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी उलयताले.

भूगोल, हवामान, तंत्रगिन्यान अशे जायते फायदे केरळांत आसात आनी लग्न आनी परिशदेचें तें पयलें स्थान जावंक जाय तशेच पर्यटन, प्रतिभा, तंत्रगिन्यान ह्या क्षेत्रांत नवी संद निर्माण जातली अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी  हांणी सांगलें. अस्तंत आशियांतल्या भारतीयांची सुरक्षीतताय राखून दवरतले अशेय आश्वासन तांणी दिले.आतां सावन राज्याक केरळम म्हणपाच्या निर्णयाचो उल्लेख करून तांणी हें म्हत्वाचें पावल उबारपा विशीं खोशी उक्तायली. त्रिशूर, तिरुवनंतपुरम, आनी जायत्या पंचायतींच्या लोकांनी एनडीएचेर आपलो विस्वास दिला, आनी पुराय केरळांतय असोच आदार मेळपाची अपेक्षा आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें. दुप्पट इंजिन सरकार दुप्पट उदरगत करतले अशें प्रधानमंत्री हांणी उक्तायले.

सभापती ओम बिर्ला हांका  काडून उडोवपाची मागणी आशिल्ल्या विरोधी पक्षाच्या थारावाचेर लोकसभभेंत  परतून एकफावट चर्चा सुरू जाल्या. हे चर्चेंत वांटो घेतना, विरोधी पक्षांनी विरोधी पक्षांच्या कांय फुडाऱ्यांचो अहंकार भागोवपा खातीर हो थाराव हाडला अशे भाजपाचे रविशंकर प्रसाद हांणी म्हणलें.

विरोधी पक्षाचे फुडारी राहुल गांधी हाणी परदेशांत उलयता आपल्या उतरां विशीं जतनाय घेवची,  राहुल गांधी भारताचें संविधान, संसद आनी वेंचणूक आयोगा आड टिप्पणी करता असो आरोप रविशंकर प्रसाद हांणी केला.

काल काँग्रेसीचे  खासदार मोहम्मद जावेद हाणें हो थाराव मांडलो. सभापती ओम बिर्ला हाणी लोकसभेंतले विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी आनी हेर विरोधी फुडाऱ्यांक सभाघरांत आपले विचार मांडपाक मान्यताय दिवना आनी विरोधी पक्षाच्या बायलां खासदारांचेर बेकायदेशीर आरोप केल्यात असो आरोप तांणी केला. सभाघरांतल्या सगळया विभागांचो विस्वास मेळोवपा खातीर जाय आशिल्ले निपक्षपातीपण सांबाळपाक ओम बिर्ला हांका  अपेस आयलें असोय आरोप मोहम्मद जावेद हांणी केला.

वस्त्रोद्योग  मंत्री गिरिराज सिंग हाणी आयज नवी दिल्लींत भारत टेक्स 2026 साचे उक्तावण केले. ही कार्यावळीची  तिसरी आवृत्ती अंदू 14 ते 17 जुलय मेरेन राष्ट्रीय राजधानींतल्या भारत मंडपांत जातली. कापड क्षेत्रांत वेपार, गुंतवणूक आनी नेटवर्किंग हांचेखातीर ती एक मुखेल माची आसा

फुडल्या दिसांनी भारत सैमीक तंतूचें केंद्र म्हणून उदेतलो अशें गिरिराज  सिंग हांणी ह्या संदर्भार उलयतना सांगलें. ह्या काऱ्यक्रमांत 141 देशांतले लोक वांटो घेतले अशें मंत्रीमंडळान नदरेक हाडलें. संवसारांत सगळयांत चड प्रमाणांत कापूस भारत रिसायकल करता आनी कापड क्षेत्रांत सगले देश भारता कडेन पळयतात अशेंय तांणी सांगलें. भारत नेक्स्टाची परिणामकारकता वाडोवपा खातीर एआय आदारीत तंत्रगिन्यान एकठांय करपाची गरज आसा हाचेरय गिरिराज सिंग हाणी भर दिलो.

बायलां आनी भुरगीं उदरगत राज्यमंत्री हांणी बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगत, आसपावीत वाड आनी लैंगिक समानताय मुखार व्हरपाच्या उद्देशान जागतीक भागीदारी खातीर भारताची वचनबद्धताय उक्तायल्या.

आयज न्यूयॉर्कांत बायलांच्या दर्जो आयोगाच्या 70व्या अधिवेशनांत आयज लैंगिक समानताय आनी बायलांच्या सशक्तीकरणा विशीं सहकार्याचेर चर्चा करपा खातीर आंतरराष्ट्रीय समकक्ष आनी संयुक्त राष्ट्र संघटनेच्या वरिश्ठ फुडाऱ्यांकडेन सावित्री ठाकुर हांणी द्विपक्षीय बसका घेतली.
बायलां आनी चलयांचें सशक्तीकरण वाडोवपा खातीर आंतरराष्ट्रीय सहकार्याक घटमूट करपा खातीर नवे मार्ग सोदून काडपाची म्हत्वाची संद हातुतल्यान मेळ्ळया अशें ताणी सांगलें.

खेळ

22 वर्सां उपरांत पयलेच खेपेक भारत - दिल्लींत 'आशिया कप 2027' तिरंदाजी सर्तीच्या दुसऱ्या टप्प्याची येजमानकी करतलो.

स्विस ओपन बॅडमिंटन 2026 सर्तींत एचएस प्रणॉय आनी किदम्बी श्रीकांत आयज दादल्यांच्या एकेरी सर्तींत भारतीय आव्हानाची सुरवात करतले.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन जम्मू-काश्मीरांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आसाम आनी मेघालयांत शेनवारा अशीच परिस्थिती निर्माण जातली जाल्यार अस्तंत राजस्थान, विदर्भा, उत्तर कोंकण आनी गुजरातांत फाल्यां मेरेन उश्णतेच्या ल्हारांचोय अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला

आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले - फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर.